# स्ट्रॉबेरी लागवडी खातीर आर्थिक मदत दिवपाच्या प्रकल्पाचो 23 डिसेंबराक शुभारंभ

ता. 21 डिसेंबर 2018
30 मार्गशीर्ष 1940

अटल ग्राम विकास एजन्सी-गोवा वतीन सांगे तालुक्यातल्या नेतूर्ली ग्रामपंचायत क्षेत्रातल्या वेर्ले आनी तुडव गावांत स्ट्रॉबेरीची लागवड करपाखातीर आर्थिक मदत दिवपाच्या खास प्रकल्पाचो शुभारंभ ता. 23 डिसेंबर 2018 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर वेर्ले-सांगेच्या सरकारी मुळाव्या शाळेलागी आयोजित कार्यक्रमात लोकसभा खासदार श्री. नरेंद्र सावईकर, राज्यसभा खासदार श्री. विनय तेंडुलकर हांचे हस्तूकी सांगेचे आमदार श्री. प्रसाद गावकर, दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायत अध्यक्ष श्री.नवनाथ नाईक, अटल ग्राम विकास एजन्सी-गोवाचे अध्यक्ष श्री. सुभाष वेळीप, एजन्सीचे हेर वांगडी, नेतुर्लीचे सरपंच, पंच आनी शेतक-यांच्या विशेश उपस्थितीत जातलो. स्ट्रॉबेरी लागवडीखातीर वेर्लेच्या शिवशक्ती आप मजत गट आनी भुमिका आप मजत गट आनी तुडवच्या उदेंगी आप मजत गट हया तीन महिला आप मजत गटानी फुडाकार घेतला.

वेर्ले आनी तुडव गांवच्या 40 कुटुंबाक हया येवजणेचो फायदो जातलो. सुमार 4500 चौ.मी.क्षेत्रात सुमार 30,000 चड उत्पन्न दिवपी स्ट्रॉबेरी रोपांची लागवड करतले. आप मजत गटाकडल्यान स्वीट चार्ली, कामरूजा, नाबिला, विंटर स्टार, एलिना, सान ऍंड्रीस आनी आर-2 हया जातीची लागवड करपात येतली. स्ट्रॉबेरीची रोपां वाई-महाबळेश्वर हांगाच्यान हाडल्यात. नेतुर्ली गावात नोव्हेंबर ते एप्रिल म्हयन्यात स्ट्रॉबेरीचे उत्पादन घेवपाक हवामान योग्य आसा.

स्ट्रॉबेरी लागवडीखातीर ड्रिप इरिगेशन वेवस्था केल्या. तशेंच शेतक-यांक पाचगणी महाराष्ट्रातल्या भिलारी गावच्या शेतक-याकडल्यान स्ट्रॉबेरी लागवडीचे प्रशिक्षण दिला. तशेंच एजन्सीन सिंचन सुविधा, मल्चींग पेपर, सारे, किडनाशक, स्प्रे आनी हेर सुविधा शेतकारांक स्ट्रॉबेरी लागवडी खातीर दिल्यात.

स्ट्रॉबेरी उत्पादन विक्रीखातीरय आवश्यक वेवस्था करपात येतली. नेत्रावळी गावात स्ट्रॉबेरी उत्पादन विक्री खातीर वेवस्था करतले. तशेंच राज्यात मुखेल शारांनी विक्री करतले. गोंय राज्य बागायत महामंडळानय आपल्या फळ-भाजी विक्री गाडयावयल्यान स्ट्रॉबेरीची विक्री करपाचे मान्य केला.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2018/1841